२४.०९.२०२५ @ ७.२० pm

**बरी भलायकी हीच खरी व्हड गिरेस्तकाय. आपली भलायकी बरी उरची म्हण प्रत्येकान स्वतच्या कुडीची बरी जतनाय घेवपाक जाय अशे अशे मत कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो हांणी व्यक्त केला.**

**पर्पल फेस्टाच्या फांटभुयेंर १०० वयर  वेगवेगळ्य कार्यावळींचें आयोजन ह्या महोत्सवावेलार केल्या अशी म्हायती  समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या**

**गोंयच्या बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्यान "आंगनबाडी सेवां वरवीं भुरग्यांचें पोशण सुदारप" ह्या विशयांतल्या यत्नांक लागून प्रतिश्ठीत SKOCH गोल्ड ॲवॉर्ड 2025 मेळ्ळा.**

**आदिवासी कल्याण येवजण्यो समाजातल्या निमण्या मनशा मेरेन पावपा खातीर नेटान वावर करतलो आनी तशी  गरज आसा अशें आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी स्पश्ट केलां.**

बरी भलायकी हीच खरी व्हड गिरेस्तकाय. आपली भलायकी बरी उरची म्हण प्रत्येकान स्वतच्या कुडीची बरी जतनाय घेवपाक जाय.व्यायाम,योगा,चलप तशेंच हेर कवायतीतल्यान निरोगी रावपाक जाय अशे मत कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो हांणी व्यक्त केला.

कांदोळे लायन्स क्लब कार्यालयात आयज स्वस्थ नारी सशक्त परीवार भलायकी शीबीर जाले.त्यावेळार ते उलयताले. बायलां सदाच तांच्या कामानी व्यस्त आसतात, मात व्यस्त राहणीमाना  सयत बरी भलायकी आसप महत्वाचे जावन आसा.ते खातीर सरकारान घडोवन हाडील्ले स्वस्थ नारी सशक्त परीवारासारख्या भलायकी शीबीरांचो लाव ताणी घेवचो अशे आवाहन ह्यावेळार मायकल लोबो हांणी केला.

ह्या शीबीरात गोडेमुत, ब्लड प्रेशर, cervical, oral and breast cancer, pap smear  तशेच दाताची तपासणी, आनी हेर भलायकेच्यो चांचण्यो जाल्यो.हे विशी दो नाझरेथ हाणी सांगले.  हेर राज्यापरस गोंयात भलायकेचे बरे उपचार मेळटा.स्वस्थ नारी सशक्त नारी health camp चो लाव बायलांनी घेवपाक जाय.भलायकी बरी जाल्यार सगले बरे. बायला सदच्या कामाच्या व्याप्यान स्वःतच्या भलायकेची जतनाय घेवपाक फाटी पडटात.स्वस्थ नारी सशक्त नारी वरवी ह्या बायलांखातीर

खासा आयोजीत केल्ल्या health camp खातीर आमच्या कांदोळेच्या बायलांक भलायकेच्यो चांचण्यो करपाक महत्वाच्यो थारतल्यो अशे ह्यावेळार थळावी नागरीक सुमेधा वेर्लेकार हीणे समाधान उक्तायले

पर्पल फेस्टाच्या फांटभुयेंर १०० वयर वेगवेगळ्य कार्यावळींचें आयोजन ह्या महोत्सवावेलार केल्या अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या. येता त्या १२ ओक्टोबरांक पणजे शारात inclusive run ह्या मेराथोन सर्तीचे आयोजन केला. सकाळी 6:30 वराचेंर ही मेराथोन सर्त जातली .हातुन सुमार 5 हजरापरस चड व्यक्ती वाटो घेतले . तातुंन दिव्यांग तशें हेर व्यक्ती लेगीत वाटो गेतली अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दिल्या.3, 5, आनी 7 किलो मीटर ह्या अंतराच्यो हयो धावपाच्या सर्ती आसतल्यो.

हे शिवाय दिव्यांग व्यक्तीचे सक्षमीकरण करप, तांका नोकरीची संधी, तांचे प्रशिक्षण हे विशी लेगीत ह्या फेस्टा वेळार चर्चा जातली अशे गोंय दिव्यांग आयोगाचे अध्यक्ष गुरुप्रसाद पावसकार हांणी सागंले.

स्वस्थ नारी सशक्त परिवार खाला आयुषमान आरोग्य मंदिर गावणे हांणी महात्मा गांधी सेन्टनरी विद्यालयांत बायलां खातीर भलायकी शिबिर घडोवन हाडलें. ह्या शिबिरांत बायलां खातीर वेगवेगळीं चांचण्यो केल्ल्यो. उंचाय, वजन, नियमित रगतांतली साकर, हिमोग्लोबीन, ॲनीमिया चांचणी आदी तज्ञ दोतोरांनी तपासली, तशेंच मानसीक दुयेंस, क्षयरोग, कॅन्सर, एड्स, कुश्ठरोग अशा जायत्या दुयेंसांचेर भलायकेक उपेगी पडपी म्हायतीची तपासणी केली. दुयेंसा प्रमाण चांचणी करून दुयेंतिक वखदां दिली. मडकय प्राथमीक भलायकी केंद्राची भलायकी अधिकारी डॉ स्मिता पार्सेकर, वैजकी अधिकारी डॉ उत्कर्ष जलमी, डॉ.शुक्ला कामत, डॉ मिलिंद कुलकर्णी, दंतवैज डॉ वैशाली केरकर, बांदोडा पंचायतीचे सरपंच रामचंद्र नायक, हजर आशिल्ले.

गोंयच्या बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्यान “आंगनबाडी सेवां वरवीं भुरग्यांचें पोशण सुदारप” ह्या विशयांतल्या यत्नांक लागून प्रतिश्ठीत SKOCH गोल्ड ॲवॉर्ड 2025 मेळ्ळा. बायलां आनी बाल विकास मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें, ही मान्यताय गोंय खातीर एक अभिमानाची खीण आनी भलायकेन बरी आनी बळिश्ट पिळगी उबारपाची राज्याची वचनबद्धताय दाखयता.दरेका भुरग्याक चड बरे पोशण आनी जतनाये वरवीं जिणेंत योग्य सुरवात मेळची हे खातीर आमच्या अखंड यत्नांची ही मान्यताय एक गवाय.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भलायकेन आनी सशक्त पिळगेक पोसवण दिवपाच्या राष्ट्रीय मिशनाक खात्याचे उपक्रम महत्वाचो तारला अशे मंत्री राणे हांणी म्हणला.

भुरग्यांक बरी भलायकी, लैंगिक समानताय, आनी समावेशी विकासाक चालना दिवपी घटमूट वेवस्था उबारपाचो राज्याचो संकल्प आनीक घटमूट करत अशे मंत्री राणे हांणी ह्यावेळार म्हणला.

शारदीय नवरात्रि उत्सव सोमार २२ सप्टेंबर सावन सुरू जाल्या, आज नवरात्राची तिसरी माळ आनी फोंडा तालुक्यात जयत्या देवळानी नवरात्र उत्सव व्हडा प्रमाणात मनयतात. जायत्या घरांनी घट स्थापित केल्या उपरांत णव दीस देवीची पुजा करतात.

आदिवासी कल्याण येवजण्यो समाजातल्या निमण्या मनशा मेरेन पावपा खातीर नेटान वावर करतलो आनी तशी गरज आसा अशें आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी स्पश्ट केलां. काणकोण तालुक्याच्या श्रीस्थळ वाठारांत मांड आनी देवळाच्या सोबीतकाय कामांचो बुन्यादी फातर बसोवपाच्या सुवाळ्यांत ते आयज उलयताले. ह्या मांडाचे जीर्णोध्दार आनी सोबीतकाय काम आमदार थळाव्या उदरगत निधींतल्यान जातलें. आमची संस्कृताय आनी ती तिगोवन दवरपाचो आमी सगळ्यांनी यत्न करचो. थळावे खेळ आनी थळावे उत्सव आमी सांबाळूंक जाय ना जाल्यार संस्कृताये कडेन आशिल्लो आमचो संबंद तुट्टलो अशें तांणी सांगलें

पयले केंद्रीय गृहमंत्री सरदार वल्लभभाई पटेल हांचे जयंती निमतान राज्यांत 27 ऑक्टोबर ते 2 नोव्हेंबर मेरेन दक्षता जागृती सप्तकाचें आयोजन जातलें. ‘दक्षता : आमची सामूहीक जापसालदारीक’, हे संकल्पनेचेर आदारीत दक्षता सप्तक मनयतले. थळावी स्वराज संस्था, स्वायत्त संस्था तशेंच कार्यालयांनी 15 नोव्हेंबर मेरेन चडांत चड कागाळी निकालांत काडच्यो. कर्मचाऱ्यांची तांक वाडोवपी उपक्रम तशेंच डिजीटल स्वरूपाच्यो सुधारणा करच्यो, अशें परिपत्रकांत नमूद केलां. भ्रष्टाचारा आड जागृती करपा खातीर मॅराथॉन, वॉकथॉन, पथनाट्याचें आयोजन करचें. जागृताये खातीर व्हडा प्रमाणांत समाज माध्यमांचो वापर करचो, अशे आदेश खात्यांक दिल्यात.

गोंय हस्तकला, ग्रामीण आनी लघू उद्देग विकास महामंडळान हस्तकला , टेक्सटायल आनी कॉयर खात्याच्या जोड पालवान फाल्या सांजेच्या 4.00 वराचेर संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा सेवा पखवाडा कार्यक्रमाचे आयोजन केला. गोंयचें हस्तकला आनी विणकाम कारागीर ह्या कार्यक्रमात सहभागी जातले. ह्या कार्यक्रमात चिकण मातयेपासून गणेश मूर्ती तयार करपी कारागीरांचो सन्मान जातलो तशेंच तांका अनुदान वाटप करतले. तशेंच प्रधानमंत्री विश्वकर्मा कारागीरांक साहित्य, आनी रीण मंजूरी पत्रां भेटयतली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, हस्तकला खात्याचें मंत्री रवी नाईक, हस्तकला, ग्रामीण आनी लघू उद्देग विकास महामंडळाचे अध्यक्ष आनी आमदार प्रविण आर्लेकर, वेवस्थापकीय संचालक सगुण वेळीप ह्या कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले.

कलंगुट असोसियेशनान गोवा प्रोफेशनल लीग फुटबॉल सरतीच्या मोहिमेक शानदार सुरवात करताना कुठाळी विलेजरसाचेर 3 आड 0 फरकान जैत मेळयले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 28.7 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता